**<u>शेतकारांक बियां आनी रोंपांचे वाटप</u>**

ता. 1 जानेवारी 2021

अटल ग्राम विकास एजन्सी – गोंय हांणी आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपुर्ण गोंय उपक्रमाखाला सांगे म्हालातल्या नेत्रावळी गांवच्या शेतकारांक भाज्यांची बियां आनी रोंपांचे वाटप केले. एजन्सीचे अध्यक्ष श्री. सुभाष वेळीप हांच्या हस्तुकीं शेतकारांक बियां आनी रोंपां वाटली. मंडळाचे वांगडी श्री. सतीश गांवकार, प्रकल्प संचालक आनी वांगडी सचिव श्री. विजय बी. सक्सेना आनी नेत्रावळीच्यो सरपंच श्रीमती अर्चना गांवकार ह्या वेळार हाजिर आशिल्ल्यो.

शेतकारांक १50 किल ज्योती जातीचे भात बियाणें, 26 हजार मिरसांगेची रोंपां, एक हजार वायंग्याची रोंपां, 3 हजार टमाटाची रोंपां, 2 किल चिटकीची बियां आनी 5 किल भेंड्याची बियां वाटली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/03

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji